# पेडण्या एनसीसी चे प्रशिक्षण शिबिर सुरू

ता. 8 जानेवारी 2026

गोवा नौदळ बटालियन1 च्या एनसीसी विभागाचे वर्सुकीं प्रशिक्षण शिबिर पेडणे हांगाच्या मल्टीपर्पज स्पोर्ट्स स्टेडियमात विभागाचे कमांडिंग ऑफिसर कॅप्टन सुमित सिन्हा हांच्या फुडारपणा खाला सध्या चालू आसा.

प्रशिक्षण शिबिराक लागून कॅडेट्सांची शारीरिक तंदुरुस्ती, मानसिक सतर्कता, सामाजिक जागरूकता आनी एकजूट आनी सलोख्याची भावना वाडपाक मजत जाता.

शिबिरांत राज्यांतल्या 25 शिक्षणीक संस्थांतले मेळून सुमार ५०० एनसीसी कॅडेट्स सहभागी जाल्ले आसात. हे शिबिर गोंय सरकारच्या खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयाच्या सहकार्यान आयोजीत केल्ले आसा.

प्रशिक्षण कार्यक्रमात शिस्त, नेतृत्व आनी व्यक्तिमत्व विकासाचेर भर दिवपा वांगडाच शस्त्र हाताळणी, सिम्युलेटराचेर बोट ओडपाचो सराव, सेमाफोर प्रशिक्षण आनी विवीध सेवा-संबंदीत विशयांचेर व्याख्यानांचो आस्पाव आसा. रस्तो सुरक्षा, घुंवळी वखदांच्या गैरवापराविशीं जागरूकता, सायबर गुन्यांव प्रतिबंध आनी संरक्षण दळांनी भरती ह्या विशयांचेर तज्ञांची भाशणां लेगीत आयोजीत केल्यात.

तशेंच कवायती, गीत आनी नाच, फुटबॉल, दोरी ओडप, चित्रकला आनी निबंध लेखन सारख्यो विवीध आंतर-संस्थां सर्ती आयोजीत केल्यात.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/29

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.